**साखळीच्या सरकारी म्हाविद्यालयांत अप्लायड स्टॅटिस्टिक्स  पदव्युत्तर पदवीका कार्यक्रम**

ता. 11 नोव्हेंबर 2021

साखळीच्या सरकारी म्हाविद्यालयाच्या वाणिज्य शाखेच्या पदव्युत्तर विभाग आनी संशोधन केंद्रावतीन रोखडेंच अप्लायड स्टॅटिस्टिक्स  पदव्युत्तर पदवीका कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येतले. ह्या पदवीका कार्यक्रमाक गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण संचालनालयाची मान्यताय आसून कार्यक्रम गोंय विद्यापिठाक सलग्न आसा. सरकारी आनी बिगर सरकारी संस्थांनी सेवा करपी वेवसायिकांची गरज विचारांत घेवन हो कार्यक्रम तयार केला. विंगड विंगड क्षेत्रांक आवश्यक आशिल्ले शिक्षीत आनी कुशळ मनीसबळ तयार करप हो ह्या कार्यक्रमाचो उद्देश आसा. कार्यक्रमात संख्याशास्त्राच्या निवडक शाखांचे ज्ञान आनी कामाचे प्रशिक्षण दितले आनी प्रशिक्षणार्थ्यांक विंगड विंगड क्षेत्रांतल्या संख्याशास्त्र प्रयोगांनी योग्य सॉफ्टवेअर वापराविशीं कुशळटाय शिकयतले.

कार्यक्रम दोन सेमीस्टराचो ( एक वर्स ) आसतलो आनी प्रत्येक शेनवाराक आनी आयताराक तो घेतले. कार्यक्रमात प्रवेश घेवपाखातीर उमेदवार गोंय विद्यापिठाची पदवी परिक्षा वा  हेर खंयच्याय मान्यताप्राप्त विद्यापिठाची तत्सम परिक्षा  उत्तीर्ण आसपाक जाय. कार्यक्रमाखातीर कांय जागे रिकाम्ये आसून गुणवत्तेनुसार पयली येवप्याक पयली हे प्रमाण प्रवेश दितले. इत्सुक उमेदवारांनी चड म्हायती खातीर प्रो. सिमा पी. रथ, कार्यक्रम समन्वयक (email:seema.rath@gcsanquelim.ac.in Mobile: 9373696506)  हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/936

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji